# कर्मचा-यांची म्हायती दिवपाची मालकांक सूचोवणी

ता. 28 फेब्रुवारी 2018
9 फाल्गुन 1939

गोंय सरकारच्या कामगार आनी रोजगार आयूक्ताच्या कार्यालयान गोंय राज्यातल्या नोकरी करपी आनी बेकार आशिल्ल्या सगळ्या व्यक्तीची म्हायती एकटाय (डाटाबेज) करपाचो निर्णय घेतला. अशा डेटाचो वापर सरकाराक वेगवेगळ्या आस्थापनांनी काम करपी कर्मचा-याखातीर नवीन येवजणों तयार करपाक जातलो. कर्मचा-यांखातीर कल्याणकारी येवजणो राबोवपाक सरकारक मदत जातली. ते खातीर सगळ्यां मालकांनी आपल्या आस्थापनांनी, उद्देगांनी नोकरेक आशिल्ल्या कामगारांची, कर्मचा-यांची म्हायती दिवन डाटाबेज तयार करपाक खात्याक सहकार्य करचे.

मालकांनी http://www.geleservices.com/GEL/EmployerDataUpload.aspxह्या संकेत थळावयल्यान डावनलोड करून घेवचे आनी आपले आस्थापन-उद्देग आनी कामगार-कर्मचा-यांची म्हायती अपलोड करची.

मालकांनी अशी म्हायती ता. 15 मार्च 2018 मेरेन अपलोड करची. चड म्हायतीखातीर 9225905914/08322437081 फोन नंबराचेर संपर्क करचो.